**आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या**

17.04.2025 @ 6.30 pm

Ncmm

**खाण मंत्रालयान राष्ट्रीय क्रिटिकल मिनरल मिशन (**NCMM) **अंतर्गत उत्कृष्टता केन्द्रा (**CoE) **स्थापन करपाक मार्गदर्शक तत्त्वा जारी केल़यात हे अभियानाच्या एका प्रमुख आधारस्तंभाच्या अनुषंगान आसा जो महत्वपूर्ण खनिजांमदलो संशोधन आणि तंत्रज्ञान विकास आसा. इलेक्ट्रॉनिक्स, संरक्षण आणि अवकाश यासारख्या प्रगत तंत्रज्ञान आणि धोरणात्मक क्षेत्रां शिवाय, स्वच्छ ऊर्जा आणि गतिशीलता संक्रमणाच्या उदेतया क्षेत्रां खातीर महत्वपूर्ण पुरवण साखळी तयार करता. मंत्रालयान एका निवेदनात म्हणला की, एंड-टू-एंड सिस्टम दृष्टिकोनात तंत्रज्ञान विकसित करपाक प्रदर्शित करपाक आणि तैनात करपाक, उच्च तंत्रज्ञान तयारी पातळी (**TRL) **मेरेन पावपा खातीर संशोधन आणि विकास करप आवश्यक आसा. उत्कृष्टता केंद्रा खुपशा स्रोतांतलयान महत्त्वपूर्ण खनिजा खातीर निष्कर्षण प्रक्रिया आणि लाभार्थी तंत्रज्ञान वळखतले, विकसित करतले आणि अंमलात आणतील आणि निर्देशित संशोधन आणि विकास करतले. या नवीन उपक्रमांतर्गत, थारायलया पात्रते परमाण प्रतिष्ठित शैक्षणिक आणि संशोधन आणि विकास संस्थांचे मूल्यांकन करतले आणि महत्त्वपूर्ण खनिजांत संशोधन आणि विकासाक** CoE **म्हणून मान्यता दितले. महत्त्वपूर्ण खनिजांच्या क्षेत्रात देशाची विज्ञान आणि तंत्रज्ञान क्षमता बळकट करपाक आणि मुखार वरपाक** CoE **नाविन्यपूर्ण आणि परिवर्तनकारी संशोधन करतले.**

Vadra

**हरियाणातल्या एका जमीन व्यवहाराकडे संबंधित मनी लाँड्रिंग चौकशीच्या संदर्भात, काँग्रेसीची ज्येष्ठ फुडारी प्रियांका गांधी वाड्रा हान्चो घोव रॉबर्ट वाड्राची अंमलबजावणी संचालनालय (ईडी) आज सलग तिसऱ्या दिसा नवी दिल्लीत ईडी कार्यालयात चौकशी करता . हो खटलो वाड्रा हाच्या कंपनीन गुरुग्रामात जमीन खरेदी केल्याकडे संबंधित आसा.**

Rajnath

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह हाणी आज सांगले की, भारताचे संरक्षण क्षेत्र आत्मनिर्भरतेच्या मार्गार मुखार वता आणि जगात संरक्षण निर्यातीची क्षमता लेगीत बळकट करता. नवी दिल्लीत जाल्या संरक्षण परिषदेच्या उक्तावण सत्रात उलयताना ताणी म्हणले की, सरकाराचे प्राथमिक लक्ष संरक्षण क्षेत्राची क्षमता वाढवप आसा. नरेंद्र मोदी सरकारान सशस्त्र दलांच्या आधुनिकी करणा वांगडा संरक्षण क्षेत्रात आत्मनिर्भरतेर लक्ष केंद्रित केला अशे सांगून संरक्षण क्षेत्रात आत्मनिर्भरता वाडोवपाक मंत्रालयान २०२५ हे वरस सुधारणांचे वर्ष म्हणून घोषित केला अशे ताणी म्हळे. या परिषदेचे उद्दिष्ट भारताच्या विकसित जायत आशील्या संरक्षण परिदृश्यार चर्चा करप आसा, ज्यातुन आत्मनिर्भरता, तांत्रिक प्रगती आणि लष्करी क्षेत्रातले धोरणात्मक सुधारणांर लक्ष केंद्रित करतले

Vaishnav

फाटल्या आर्थिक वर्षात भारताची स्मार्टफोन निर्यात दोन लाख कोटी रुपयांच्या विक्रमी पातळेर पावल्या. गेल्या आर्थिक वर्षाच्या पयल्या धा म्हयन्यांत स्मार्टफोन भारतातलो सगळ्यांत व्हड निर्यात म्हण उदेला इलेक्ट्रॉनिक्स आणि आयटी मंत्री अश्विनी वैष्णव हाणी सोशल मीडिया पोस्टत हे सांगले. ताणी म्हणले की, २०१३-१४ त देशाची स्मार्टफोन निर्यात एकशे सदुसष्टव्या व्या क्रमांकार आशिल्ली आणि आता ती पयल्या क्रमांकार पावल्या त्यांनी अशेय सांगले की, सरकारान २०२० त स्मार्टफोना खातीर उत्पादन-संबंधित प्रोत्साहन योजना सुरू केली जी या क्षेत्रा खातीर एक महत्त्वाचो खिण आसा. मंत्र्यान म्हणले की, या क्षेत्रातल्या बायला खातीर लाखानी नवीन नोकरयो निर्माण जाल्यत.

Shah

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शहा हाणी सीआरपीएफ जवानांच्या शौर्याचे कौतुक केले; त्यांचे शौर्य देशाच्या इतिहासात जीवे आशिल्याचे म्हणले. केंद्रीय गृहमंत्री अमित शहा हाणी ३१ मार्च २०२६ मेरेन देशातळ्यान नक्षलवाद पूराय पणन

सोपयतले आणि सीआरपीएफ जवानाची हातूत सरगळ्यात महत्त्वाची भूमिका असतली.सीआरपीएफच्या शायशाव्या स्थापना दिसा निमित्त आज मध्य प्रदेशात नीमच हांगा आयोजित कार्यक्रमात शाह उलयताले. तानी म्हणले की, आपल्या कोब्रा बटालियनचे सैनिक देशाक नक्षलमुक्त करपाक अभूतपूर्व काम करतात. तुमच्या अदम्य धैर्याच्या बळार नक्षलवादापासून पूराय पनाण मुक्त जावपाचो देशाचा संकल्प पूराय जातलो. देशाच्या अमर शहीदांच्या बलिदानाक आदरांजली ओपताना शाह हाणी म्हणले की, देशाचो इतिहास बरंयतले तेन्न सुरक्षा दलातल्या अमर शहीदांच्या शौर्याची गाथा पयली भानग्रा अक्षरांनी बरयतले.

## शूटिंग

शूटिंगांत इंदर सिंग सुरुची आनी सौरभ चौधरी ह्या भारतीय जोडयेन पेरूच्या लिमा शारांत जाल्ल्या 10 मीटर एअर पिस्तूल मिश्र पंगड सर्तीच्या फायनलींत चीनी जोडी कियानक्सुन याओ आनी काई हू हांचेर 17-9 अशी हार घालून भांगरा पदक जिखलें. हाचे आदीं ऑलिंपिक पदक विजेतो मनु भाकर आनी रविंदर सिंग हांची भारतीय मिश्र जोडी हांका हार खांवची पडली

## तापमान

भारतीय हवामान खात्यान आयज राजस्थान आनी गुजरातात जायत्या सुवातींनी खर उश्णतायेची ल्हारां पातळपाचो अदमास उक्तायला. तशेंच केरळ, माहे, मध्य महाराष्ट्र, मराठवाडा आनी गुजरात हांगा हवामान खात्यान काय सुवातीनी उश्ण आनी दमट परिस्थितीचो अदमास उक्तायला. हवामान खात्यान बिहार, आसाम आनी मेघालयात काय सुवतिनि व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास उक्तायला.

नमस्कार